मोदी सरकारच्या कार्यकाळात अछे दिन आयाल्यात. आज गोय आणि केंद्र सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय तत्वाचेर  लोकांचे काम करता आणि चालता, स्वच्छ भारत अभियान बरोबरच स्वस्थ भारत अभियान देशात सुरू आसा. गोय सरकार बऱ्यात बरे साधन सुविधा दिवपक यशस्वी जाल्या. नारीशक्ती, हर घर जल, ग्रामीण विकास योजना, स्टार्टअप मिशन, डिजीटल इंडिया अश्यो जयत्यो  केंद्र सरकारच्यो योवजण गोयात बेस बऱ्या तरेन सुरू आसात. गोय राज्य पूर्णपणान स्वयंपूर्ण जावचे म्हूण सरकार काम करीत आसा. त्या खातीर सरकारनं विविध यावजण्यो चालिक लायल्यात अशें मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हानी म्हळे.

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान गोंय सरकारा वतीन संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ आज  राजीव गांधी कला मंदिर फोंडया हांगा  आयोजित केलली. ह्या वेळार जाल्या कर्यावलित मुखेल सोयरे म्हूण मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत तर मानाचे सोयरे म्हूण केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हाजिर आशील्ले. मुखार् उलयतना मुख्य मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हानी गोवा सरकार नारीशक्ती,युवा शक्ती, किसान शक्ती आणि गरिबकल्याण  ह्या तत्वचेर काम करता अशें म्हळे.

ह्या वेळार राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हानी आपल्या उलोवपत अंत्योदय तत्वाचेर सरकारचे येवजणयो पावोवपाक राज्य सरकार आणि केंद्र सरकार यशस्वी ठरल्या. गेली 11 वर्सा सरकारनं पंतप्रधान मोदी हांच्या नेतृत्व खला भारत देश विकसित केला. हो देश पूर्णपणान विकसित करपाक दर एकल्यान हातभार लावचो अशे म्हळे.

ह्या वेळार माचयेर खासदार सदानंद तनावडे, सभापती रमेश तवडकर, सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाई, कृषी मंत्री रवी नाईक,

पर्यटन मंत्री रोहन खवटे, कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे, महसूल मंत्री बाबुष मोंसरात, मत्स्य पालन मंत्री नीलकंठ हलार्णकार . उपसभापती जोसुआ डिसोझा,मुख्य सचिव डॉ.चांदवेलू , फोंडाचे नगराध्यक्ष आनंद नाईक आणि हेर मानेस्त हाजिर आशिलले.

मंत्री सुभाष शिरोडकर हानी येवकराचे उलोवप केले. ह्या वेळार विकास पुस्तिकेचे उक्तवण मनेस्ताच्या हस्तुकी जाले. तर संकल्प से सिद्धी खाशेली चित्रफीत ह्या वेळार प्रदर्शित केली. ह्या वेळार तरेकवार येवजण्याचा लाभारत्त्याक मंजूरी पत्रका भेटयली. तशेच विविध सरकारी अधिकारी , खाती,बँक आणि सेवा भावी संस्थेचे पदाधिकाऱ्यांचे भोवमान केले. तर निवडक बायला उद्योजिकाक लखपती दिदी महूण भोवमान केलो. ह्या वेळार वनहक्क कायद्या खाला सुमार 135 जणक सनदांचे वाटप केले.मुख्य सचिव डॉ.चांदवेलू हानी उपकराचे उलोवप केले

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज देव खाप्रेश्वरचे नव्या देऊळ उबारपाच्या सुवातीची वचोन पळोवणी केली.ह्यावेळार तांणी ह्या वाठारात लायील्ल्या वडाच्या झाडाची विधीवत पुजा केली.

पर्वरे म्हामार्गाच्या रूंदीकरणाखातीर देव खाप्रेश्वराचे आदले देउळ स्थलांतरीत करचे पडले,देवळाचे काम जाता तीतल्या बेगीन पुराय करपाचो सरकाराचो विचार आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार म्हळा.

ह्यावेळार पर्वरे मतदारसंघाचे आमदार आनी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे तशेंच पर्वरेचे नागरीक हाजीर आशील्ले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचा फुडारपणाखालच्या सरकारान , कामगीरी चे राजकारण हाडून, देशाक जापसालदार आणि प्रतिसाद दिवपी सरकार दिऊन, देशाची राजकिय संस्कृताय बदलल्या, अशे केंद्रीय मंत्री यांनी भाजपाचे अध्यक्ष जगत

प्रकाश  नड्डा हाणी म्हळे. मोदी सारकारान इकरा वारसा पुराय केल्या निमतान भाजपा अध्यक्ष नड्डा नवी दिल्लीतल्या एका पत्रकार परिषदेत उलयताले. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या  मुखेल पणाखाल  चे  सरकार  धाड़सी निर्णय घेवपी  प्रभावी सरकारां आसा. अशे  ताणी  मुखार म्हळे . हे  सरकार जनतेच्या  चा फुडारपणाखालचे आसून  पारदर्शक तायेचो एक नवो  मानक ताणी  स्थापन केला, तेचपरी फाटले अकरा वरसांत मोदी  सरकारान विकसित भारताची बुनियाद रचल्या  अशेय  भाजपा अध्यक्ष जेपी नड्डा हाणी  मुखार म्हळे .

शाराचे पर्यावरण सुदारपा खातीर दिल्ली सरकारान ह्या हंगामांत 70 लाख झाडां रोवपाचें लक्ष्य थारायलां अशें दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुला हांणी सांगलें. एक पेड माँ के नामाच्या फुडाकारान दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्तान आयज नवी दिल्लीच्या शालीमार बाग हांगाच्या सरकारी शाळेत आपल्या आवयच्या उगडासाक सिंदूर प्लांट लायलो. 'एक पेड माँ के नाम' ह्या दुसऱ्या माळेत दिल्ली शिक्षण खातें आनी शाळा वांटो घेतात अशें सुश्री गुप्तान सांगलें. आदल्या सरकारान दिल्ली सरकाराच्या प्लॅटफॉर्मातल्यान हो प्रकल्प केन्नाच मुखार व्हरूंक ना असो आरोप तिणें केला.

स्वातंत्र्य संघर्शाच्या व्हड नायक भगवान बिरसा मुंडा हांका आयज ताच्या शहीद दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्रद्धांजली दिल्या. भगवान बिरसा मुंडान आदिवासी भाव-भयणींच्या कल्याणा खातीर आनी तांच्या हक्कांची राखण करपा खातीर आपलें जिवीत ऑपलें अशें तांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. तांचो त्याग आनी भक्ती देशांतल्या लोकांक प्रेरणा दितली अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

गोंय

राज्यातल्या महाविद्यालयानी आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी राष्ट्रीय सेवा योजना विभागावरवी ' एक पेड मां के नाम २.० ' कार्यावळीत वांटेकार जावंचे अशें केंद्र सरकारच्या तरनाटें वेवहार मंत्रालयान मांगलां.

५ जून ते ३० जून मेरेन ही कार्यावळ सगळ्या शाळांनी चालीक लावची अशे महाराष्ट्र आनी गोंय विभागाच्या एन. एन. एस. विभागान मांगला. राष्ट्रीय सेवा येवजण कार्यावळ अधिकाऱ्यांनी आनी विद्यार्थ्यांनी आपआपल्या शाळा वाठारांत झाडां लावन ताची जतनाय घेवंची अशी आस्त ह्या मोहिमेंवरवी दवरल्या. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात कार्यावळींत मारिल्ल्या उल्या प्रमाण ही कार्यावळ मुखार वतली अशें केंद्रीय युवा वेवहार

मंत्रालयान स्पश्ट केलां. आपले आवयचे नावान एक झाड लावप आनी ताची फावो ती जतनाय घेवप म्हळ्यार आवय प्रती कृतज्ञताय उक्तावप थारतले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगील्ले.

दोतोरांचे आंदोलन

गोंय वैजकी महाविद्यालयांत भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी डॉ. रुद्रेश कुट्टीकर हांचे कडेन केल्ले अपमानाचे वागणुकेचो निशेध करीत शुक्रारा गोमॅकॉंतल्या दोतोरांनी आंदोलन केलें. गोंय आयएमए, विभाग मुखेली, निवासी डॉक्टर आनी वैजकी विद्यार्थ्यांनी डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार हांच्या कार्यालया मुखार निशेद केलो.

भलायकी मंत्री राणे हांणी डॉ. कुट्टीकार हांचे विशीं दाखयिल्ले वागणुकेची डॉ. कुट्टीकर हांचे सयत तांच्या कुटुंबाचीय चूक मागल्या. फकत दुयेतींक बरी वागणूक मेळची होच हेत आशिल्लो. मात दुर्दैवान काय जाण हाचें राजकारण करतात, अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ट्विट करून सांगलां. भलायकी मंत्री

विश्वजित राणे हांणी डॉ. कुट्टीकार हांची चूक मागपाची मागणी विभाग मुखेली तशेंच निवासी दोतोरांच्या पंगडान केल्या. हे विशीं डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार हांकां निवेदनूय सादर केला.

गार्ड अध्यक्ष डॉ. आयुष शर्मा हांणी गोमॅकोंत ७ जुनाक घडिल्ले घडणुकेचो व्हिडियो काडिल्ले प्रकरणांत गुन्यांव नोंद करपाची मागणी केल्या. हे विशींचे निवेदन तांणी डिनाक सादर केलां.